# विकसीत भारत 2047- खातीर नशामुक्त राष्ट्र निर्माण करपाची गरज- मुख्यमंत्री

27 फेब्रुवारी 2026

नशामुक्त समाज निर्माण करपाच्या संकल्पा सयत आयज बांबोळीच्या श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमांत नशामुक्त भारत अभियानाचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं उक्तावण उक्तावण जालें. घुंवळें वखदांआड जागृताय, घुंवळें वखदांक प्रतिबंद आनी नशामुक्त समाज निर्माण करपाच्या कार्यक्रमांनी वाटो घेवपाक समाजाक प्रोत्साहीत करपाच्या उद्देशान भारत सरकाराच्या समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान गोंय सरकाराच्या सहकार्यान ड्रग मुक्त भारत अभियाना खाला भव्य भौशीक कार्यावळ आयोजीत केल्ली.

15 ऑगस्ट 2020 दिसा देशांत राष्ट्रीय पांवड्यार नशामुक्त भारत अभियानाक सुरवात जाल्ली. नशामुक्त भारत निर्माण करपा खातीर ह्या अभियाना खाला देशभरांत व्हडा संख्येन भौशीक उपक्रम चालू आसात. गोंयांत शिक्षणीक संस्थां, समाजीक संस्थां आनी हेर यंत्रणांच्या सहभागान घुंवळें वखदांआड जागृताय कार्यक्रमांची अंमलबाजावणी करतात. राज्याभायल्या वाठारांतल्या जावपी धुंवळें वखदांचो वेपार थांबावपा खातीर संबंदीत यंत्रणां कडल्यान कडक कारवाय जाता.

अभियानाचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला केंद्र सरकार विकसीत भारत 2047 संकल्पा सयत नशामुक्त राष्ट्र निर्माण करपाच्या उद्देशान वावर करता. नशामुक्त भारत अभियानात युवकांचो सहभाग म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे सांगून मुख्यमंत्र्यान प्रत्येक मनशान नशामुक्त समाज निर्माण करपाक योगदान दिवपाचो उलो मारलो. तशेंच तांणी नागरिकांनी काऊसिलींग, पुर्नवसन, धुंवळें वखदांक बळी पडिल्ल्यांक व्यसन सोडपाक मजत करप, धुंवळें वखदांचो वेपार थांबोवपाक संबंदीत यंत्रणांक सहकार्य करपाची मागणी केली. धुंवळें वखदांचे व्यसन सोडून बऱ्या मार्गाक लागील्ल्या मनशाचेय तांणी अभिनंदन केले.

केंद्रीय समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री डॉ. विरेंद्र कुमार, समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, श्री, ब्रम्हानंद शंखवाळकर, सुशांत पंत, श्रीमती प्रतिमा गुप्ता, विविध संस्थांचे प्रतिनिधी, विद्यार्थी आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/149

--

-----------------------------------------------------------------------------------------
---------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.